भुरग्याक पवित्र पुस्तक

सादर करपी

# देव अब्राहमाच्या मोगाची परिक्षा घेता



बरोवपी. :- Edward Hughes

समजावपी :- Byron Unger; Lazarus
Alastair Paterson

बानून घेवपी :- M. Maillot; Tammy S.

अनुवाद करपी :- सिप्रियानो गोन्सालवीस

सादर करपी :- Bible for Children
www.M1914.org

©2024 Bible for Children, Inc.
लायसन्स विकीना तो परान कापी करपाची आनी प्रींट करपाचो आधिकार आसा.

देवाच्या भासेन बरोयलेली काणी तुमका उजवाड दितली.



एके राती देवान अब्राहामाक
एक विचित्र आदन्या दिली.
अब्राहामान देवा परस चड
आपल्या पुता इसहाकाचो
मोग करता काय ना हें
पळोवपाची ही परिक्षा
आशिल्ली.

“तुजो पूत इसहाक घेवन ताका होमबळी अर्पण कर” देवान आदन्या केली. इसहाकाक भेट करप? आपल्या पुताक बळी दिवप? तें अब्राहामाक कठीण आशिल्लें. तो आपल्या पुताचो खूब मोग करतालो.



पूण अब्राहामान समजनासतना लेगीत
देवाचेर विस्वास दवरपाक शिकलो.
सकाळीं तो इसहाक आनी दोन
नोकरांक घेवन बळी दिवपाच्या
दोंगराक वचपाक भायर सरलो.



अब्राहामान वचचे पयलीं
होमबळीक उजो लावपाक
लांकडाचे कुडके फाडले.
अब्राहामान देवाची
आदन्या पाळपाची
येवजण केली.





तीन दिसांनी ते दोंगराच्या लागीं पावले. “हांगा राव” अब्राहामान आपल्या नोकरांक सांगलें. “आमी वचून आराधना करतले आनी तुजे कडेन परत येतले.”

इसहाकान लांकूड व्हलें; अब्राहाम उजो – आनी सुरी घेवन गेलो.

“होमबळी खातीर मेंद्रो खंय आसा?” इसहाकान विचारलें. “देव स्वताक एक मेंद्रो दितलो” अब्राहामान जाप दिली.



दोगूय देवान वेंचून काडिल्ल्या अचूक जाग्यार आयले. थंय अब्राहामान एक वेदी बांदून देवा मुखार बळी लासपाखातीर लांकडाची वेवस्था केली. अब्राहामान जायत्यो वेदी बांदल्यो. खात्रीन हे एक बांदप सगळयांत कठीण आशिल्ले.



अब्राहामान इसहाकाक बांदून आपल्या प्रिय पुताक वेदीचेर दवरलो. अब्राहम खरेंच देवाचें आदन्या पाळपाचो आनी आपलो एकलोच पूत आपल्या मोगाळ इसहाकाचो बळी दिवपाचो आशिल्लो काय?





हय! अब्राहामान सुरी
उंच उबारतना ती
चकचकली. ताचें
काळीज मोडटा आसूं
येता, पूण अब्राहामाक
कळ्ळें की ताणें देवाची
आदन्या पाळूंक जाय.



“थांब!”
सर्वेस्पराच्या
देवदूतान मोटयान
आवाज काडलो. “आतां
म्हाका कळळां, तूं
देवाक भियेता.
तुवें तुज्या पुताक,
तुज्या एकल्याच
पुताक म्हजे
कडल्यान
आडावंक
ना.”

झाडां मदलो एक मेढो पळोवन
अब्राहामान इसहाकाक बांदून सोडलो
आनी ताचे बदला मेढराचो बळी दिली.
घडये इसहाकाक दिसलें, “देवान
पुरवण केली, म्हज्या बापायन
सांगिल्ले प्रमाणे.”



बापूय आनी पूत आराधना करताना, सर्वेस्पराचो देवदूत अब्राहामा कडेन उलयलो. “तुवें आज्ञापालन केल्ल्यान सगळया राश्ट्रांक तुमच्या भुरग्यांनी, आशीर्वाद मेळटलो.” केन्ना तरी अब्राहमाच्या वंशातल्यान जेजू जल्माक येतलो.



अब्राहम आनी इसहाक घरा परतले. कांय वेळा उपरांत दुख आयलें. सारा मेली. अब्राहामाक आपली बायल सोडून गेल्ली आनी इसहाकान आपली आवय सोडून गेल्ली.



निमाणे संस्कार जाले उपरांत अब्राहामान आपल्या मुखेल नोकराक इसहाकाक बायल सोदपाक धाडलो. तो नोकर अब्राहमाच्या नात्यांतल्या लोकांमदीं बायल सोदपाक तांच्या पोरन्या मायभूंयेक गेलो.



सेवकान देवाक एक चिन्नां मागली. “म्हज्या उंटांक उदक दिवपी चली इसहाकाक योग्य आसूं.” रोखडेंच रिबेकान तांकां उदक दिवपाची पेश केली. ती अब्राहमाची एक नातेदार आशिल्ली. देवान ताच्या प्रार्थनेक जाप दिला हें नोकराक कळ्ळें.



रेबेका आपलें कुटुंब सोडून इसहाका कडेन लगन जाली. आवय मेल्या उपरांत तिणें ताका सांत्वन दिलें. इसहाकान तिचो खूब मोग केलो!



देव अब्राहमाच्या मोगाची परिक्षा घेता

देवाच्या उतरांतली, पोवित्र पुस्तोकांतली एक काणी,

आमका मेल्टा

उत्पत्ती २२-२४

“तुज्या उतराचो प्रवेश उजवाड दिता”
स्तोत्र 119:130

# शेवट

हे पवित्र बायबल पुस्तक आमका आजापाचो सुंदर काणीयो सांगता देवाचे जाणे आमका रचल्यात ताका आमका जाणा जावपाक जाय.

देव जाणा आनी जायते वायट करतात ताका आमी पातक म्हणटाट. पातकाक मरण ही शिक्षा, पुण देव आमचो इतको मोग करता ताणे आपल्या एकल्या पुताक धाडलो. जेजु खुरर्सार मेलो, जेजु परत जिवंत जालो आनी सर्गार चडलो. तु तर देवाचेर विशवास दवरता ता`तुजी पातका भगझितली. तो तुमचे सागात रावतालो आनी तुमी ताच्या वागडा सदा काळ.

हे रातभर तुमी सनमानतात जाल्याक देवाक म्हणात मोगाळा जेजु हात सनमानता तु देव आनी आत तु म्हज्या पातका पासान मेलो आनी तु आता जियंत तु म्हज्या जिवितान यो आनी म्हजी पातका भोगस आनी म्हाका नवे जिवित दि
हावे सदाच माग दिवपाक तुजे भुरगे कशे.

पवित्र पुस्तक वाचात आनी दर दिसा देवा कडेन उलयात! जुांव 3:16